# <u>मुख्यमंत्र्या हस्तुकीं प्रतापनगर हरवळे हांगा नव्या वास्तुचे लोकार्पण</u>

ता. 11 फेब्रुवारी 2020

मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या उपस्थितीत प्रतापनगर साखळी हांगा लोकांच्या सोयिखातीर उबारपात आयिल्ल्या वास्तुचो लोकार्पण सुवाळो जालो.

ह्या वेळार दिवचलचे गट विकास अधिकारी श्री. श्रीकांत पेडणेकर, हरवळेचे सरपंच श्री. गुरूप्रसाद नाईक, श्रीमती नंदिनी गावस, श्री. राजू मळीक, श्री. अंकुश मळीक, श्री. रमेश म्हार्दोळकर, अनिल मोरजकर माचयेर हजर आशिल्ले.

ह्या वेळार उलयतना डॉ. सावंत हांणी सरकारान ग्रामीण वाठारांच्या उदरगतीचेर भर दिल्ल्याचे सांगून जागो उपलब्ध जाता थंय लोकांच्या उपयोगाचे विकास प्रकल्प उबारपात येता, अशें सांगले.

लोकप्रतिनिधींनी आपल्या वाठारांतल्या लोकांच्यो गरजो जाणून घेवन त्या प्रमाण विकास कामांचे प्रस्तांव तयार करून गांवची उदरगत करपाक फुडाकार घेवचो, अशें मुख्यमंत्र्यान सांगले. हरवळे ही नवीन ग्रामपंचायत आशिल्ल्यान ह्या पंचायत वाठाराच्या विकासाकडेन आपले खास लक्ष आशिल्ल्याचेय तांणी सांगले.

सरपंच श्री. गुरूदास नाईक हांचेय ह्या वेळार उलवप जाले.

श्रीमती स्नेहा देसाय हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले जाल्यार श्री. राजू मळीक हांणी निमणे उपकार मानले.

ह्या वेळार वेळगेचे सरपंच श्री. गोविंद गांवकर, गोपाळ सुर्लकर, कालिदास गावस, पांडुरंग कुर्डीकर आनी हेर मानेस्त हजर आशिल्ले.

म्हा /सप/ जॉआ/ विगां/ 2020/132

--

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA